# <u>सहकार सप्तकाची कार्यावळ</u>

ता. 13 नोव्हेंबर 2023

सहकार खात्यावतीन 14 ते 20 नोव्हेंबर 2023 मेरेन 70 वो अखिल भारत सहकार सप्तक मनोवपात येतलो. “ROLE OF Cooperatives in $ 5 Trillion Economy and SDGs”. अशी ह्या वर्साच्या सहकार सप्तकाची संकल्पाना आसा. सहकार सप्तकानिमतान खात्यान राज्यांत साबार कडेन सहकार संस्थांच्या सहकार्यान कार्यक्रमांचे आयोजन केला. 14 नोव्हेंबर 2023 दिसा रविंद्र भवन, साखळी, 15 नोव्हेंबर 2023 दिसा सहकार संकुल, पाटो पणजी, 16 नोव्हेंबर 2023 दिसा बहुउद्देशीय सभाघर, सरकारी वाणिज्य म्हाविद्यालय, बोर्डा- मडगांव, 17 नोव्हेंबर 2023 दिसा वाळपय नगरपालिका सभाघर, वाळपय, 18 नोव्हेंबर 2023 दिसा तुळशीराम सभाघर, मरड-म्हापशें, 19 नोव्हेंबर 2023 दिसा भौशीक गणेशोत्सव मंडळ सभाघर, शिरोडा बाजार, शिरोडा आनी 20 नोव्हेंबर 2023 दिसा सरकारी उच्च माध्यमिक सभाघर, मास्तिमळ-काणकोण हांगा सहकार सप्तकाची कार्यावळ जातली.

14 नोव्हेंबर 2023 दिसा रविंद्र भवन, साखळी हांगा सकाळी 10.30 वरांचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं सहकार सप्तकाचे उक्तावण जातले. सहकार मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर कार्यावळीचें यजमान आसतले. साखळी नगरपालिकेच्यो नगराध्यक्ष श्रीमती रश्मी देसाय मानाच्यो सोयरी आसतल्यो. सहकार सचीव संदीप जॅकीस हे खास निमंत्रीत आसतले. नाबार्डाचे सरवेवस्थापक मिलिंद भिरूड कार्यक्रमाचे मुखेल उलोवपी आसतले.

20 नोव्हेंबर 2023 दिसा सांजेच्या 3.00 वरांचेर सरकारी उच्च माध्यमिक सभाघर, मास्तिमळ-काणकोण हांगा सहकार सप्तकाचो समारोप कार्यक्रम जातलो. गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आसतले. सहकार मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर ह्या वेळार मानाचे सोयरे आसतले. काणकोणच्या एस. एस. आंगले उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे प्राचार्य श्री. हेमंत मधुसूदन कामत हे कार्यक्रमाचे मुखेल उलोवपी आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/866

--
------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.